**Aakashvani Panaji National Bulletin 8.40 am 3rd December 2025**

**Kashi 75**

**काशी-तमिळ संगमाची चौथी आवृत्ती काल उत्तर प्रदेशातल्या वाराणसीत सुरू जाली. केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान आणि उत्तर प्रदेशचे मुख्यमंत्री योगी आदित्यनाथ संयुक्तपणान या कार्यक्रमाचे उक्तावण केले. हाचो उद्देश उत्तर आणि दक्षिणेतले संबंध घट्ट करप आसा. कालसांजे नमो घाट हांगा भव्य उक्तावण समारंभ जालो. या वर्साच्या कार्यक्रमाचो मथाळो 'चला आमी तमिळ शिकूया वा तमिळ करकलम' आसा. या आयतारा त्यांच्या मन की बात कार्यक्रमात प्रधानमंत्र्यानी काशी-तमिळ संगमम हे तमिळ भाषेकडे संलग्न आशिल्या सगळयांक एक महत्त्वाची माची जाल्या अशे म्हणील्ले Byte तमीळ पी एम.**

**PM-85**

**प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी प्रधानमंत्री कार्यालयाचें नांव सेवा तीर्थ अशें बदललां. सोशल मिडिया पोस्टांत केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी राजभवन आनी राज निवास हांचीं नांवां लोकभवन आनी लोक निवास अशें**

बदलपाचें काम सुरू आसा असो उल्लेख केला. सेवा आनी बऱ्या प्रशासनाक मुखेल प्राधान्य दिवन विकसीत आनी श्रेश्ठ भारत उबारपाच्या राष्ट्राच्या प्रवासांतलो एक म्हत्वाचो मार्गदर्शक फातर थारला अशें तांणी वर्णन केलें. फाटल्या 11 वर्सांत नरेंद्र मोदी सरकार सत्ते परस सेवाचो पर्याय जावन आसा, जंय प्रधानमंत्री स्वताक प्रधान सेवक मानता आनी लोकां खातीर वावुरता अशें घरमंत्र्यांनी सांगलें.

Pres 60

आयज नवी दिल्लींत आंतरराष्ट्रीय दिव्यांग व्यक्तींच्या दिसा निमतान राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू दिव्यांग व्यक्तींक सशक्त करपाच्या यत्नांक लागून व्यक्तींक आनी संस्थांक राष्ट्रीय पुरस्कार भेटयतल्यो. अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तींचो संकल्प, समर्पण आनी सशक्तीकरण मनोवप , तांच्या धैर्याचो आनी कामगिरीचो भोवमान करप हो ह्या सुवाळ्याचो हेत आसा. दिव्यांग विद्यार्थी, वरिश्ठ राजनयिक, उद्देगीक भागीदार, आनी दिव्यांग व्यक्तींच्या सशक्तीकरण खात्यांतले मानेस्त आनी अधिकारी ह्या सुवाळ्याक हाजीर रावतले

Rijiju 55

केंद्रीय संसदीय कामकाज मंत्री किरेन रिजिजू हानी विरोधी पक्षांच्या फुडाऱ्यांचेर विशेष सघन मतदार यादी (SIR) च्या मुद्द्या वेल्यान संसदेच्या कामकाजात आडमेळ हाडिल्याबद्दल टीका केली.

संसदे भायर माध्यमांकडे उलयताना ताणी, विरोधकाक नवीन मुद्दे सोदपाची आणि संसदेत आडमेळ हाडपाची गरज ना अशे म्हणले.कामकाजाची वळेरी तयार केल्या आणि खुपशे मुद्दे आसात आणि सरकार विरोधी पक्षांनी उपस्थित केल्या मुद्द्यांचेरूय चर्चा करतले.Byte रीजीजु

Tiruvananthpuram pres 85

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज दनपारां तिरुवनंतपुरमात पावतलयो आनी नौदलाच्या ऑपरेशनल डेमोंत मुखेल सोयरो म्हूण वांटो घेतल्यो . तिरुवनंतपुरमा लागसारच्या शांगुमुघम बीचाचेर भारतीय नौदळाच्या कार्यकारी निदर्शना खातीर तांका येवकार दिवपाची सगळी तयारी केल्या . त्यो दनपारां तिरुवनंतपुरम आंतरराष्ट्रीय विमानतळार पावतल्यो आनी मुखेल सोयरो म्हूण ह्या कार्यावळीक हाजीर आसतल्यो . ह्या कार्यकारी डेमोंत नौदलाची तांक आनी झुजाची तयारी उजवाडाक येतली, तातूंत 19 मुखेल झुजारी जहाजां आनी झुजारी विमान आनी देखरेखीचे विमान सयत 32 विमानां आसतलीं. कार्यावळी उपरांत राष्ट्रपती लोकभवनात वतल्यो आनी आयतारा सकाळीं दिल्लीक परत येतल्यो .

**Parliament 113**

**संसदेंत सरकार आनी विरोधी पक्ष हांचे मदलो वाद सुटावो जालो. दोनूय वटांनी वंदे मातरम ह्या राश्ट्रीय गीताचेर तशेंच वेंचणुकेंतल्या सुदारणां विशीं चर्चा करपाचें मान्य केलें. दोन दीस व्यत्यय आयले उपरांत लोकसभेचे अध्यक्ष ओम बिर्ला हाणी फुडाऱ्यां वांगडा वेवसायीक सल्लागार समितीची बसका घेतली. थंय 9 आनी 10 डिसेंबराक संसदेच्या सकयल्या सभाघरांत वेंचणूक सुदारणां विशीं 10 वरां चलपी चर्चा जातली अशें थारायलें. तशेंच वंदे मातरमाच्या 150व्या वर्सुकी चर्चा वेळार 8 डिसेंबराक दनपारां 12 वरांचेर जातली अशेंय बसके वेळार थारायलें . भारताच्या राष्ट्रगीताच्या 150व्या वर्साच्या सुवाळ्यात प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी खासा चर्चा सुरू करपाची शक्यताय आसा. प्रसार माध्यमांक मार्गदर्शन करतना संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हांणी , संसदीय लोकशाये खातीर वेंचणुकेची प्रक्रिया म्हत्वाची आसा अशें सांगलें .**

**Russia 106**

**रशियेचे राष्ट्राध्यक्ष व्लादिमीर पुतीन हांच्या 23व्या भारत-रशिया वर्सुकी शिखर सभे खातीर येवपी भेटी वेळार भारत आनी रशिया हांचे मदीं जायते कबलाती जावपाची शक्यताय आसा. विदेश वेव्हार मंत्रालयांतल्या एका अधिकाऱ्याच्या म्हणण्या प्रमाण, वेपार, अर्थवेवस्था, भलायकी, शिक्षणीक मळार, संस्कृताय आनी माध्यमां**

संबंदीत वाठारांनी करार जातले. ह्या भेटी वेळार दोनूय राश्ट्रां मदीं सदांच  वेपारी आनी अर्थीक संबंदांचेर लक्ष केंद्रीत करतले. संरक्षण, उर्जा, अंतरिक्ष ह्या मळार भारत आनी रशिया हांचेमदीं सहकार खूब म्हत्वाचो आसा. रशियेंत मनीसबळाची गरज वाडत आसा आनी भारत आनी रशिया हांणी भारतीय कामगारांची राखण करपा खातीर आनी कुशळ स्थलांतराक चालना दिवपा खातीर कबलात करपाची अपेक्षा आसा. भारतांतल्यान रशियेक आयात वाडोवपाची शक्यताय संयुक्तपणान सोदतात अशें क्रेमलीनाच्या प्रवक्त्यानी  सांगलें.

Red fort 68

लाल  किल्ल्या लागसार 10 नोव्हेंबराक जाल्ल्या गाडयेच्या स्फोटाक लागून 15 जाणांक मरण आयिल्ल्या प्रकरणांत खटलो आनी हेर गजालीं खातीर केंद्रीय गृह मंत्रालयान वरिश्ठ वकील माधव खुराणा हांका  खाशेलो भौशीक अभियोजक म्हणून नेमणूक केल्या अशें सरकारी आदेशांत म्हणलां. ह्या आदेशा प्रमाण एनआयएच्या खाशेल्या न्यायालयांत आनी दिल्ली उच्च न्यायालयांत खटलो आनी हेर कायदेशीर गजाली करपा खातीर राष्ट्रीय तपास एजन्सी वतीन खुराणाची तीन वर्सां खातीर खाशेली भौशीक अभियोजक म्हणून नेमणूक केल्या.

**NADDA 123**

**केंद्रीय भलायकी मंत्री जे पी नड्डा हांणी भारतांत क्षयरोग मरण येवपाचें प्रमाण 2015 वर्सा दर लाख लोकसंख्येक 28 आशिल्लें तें 2024 वर्सा दर लाख लोकसंख्येक 21 जालां.टीबी-मुक्त भारत अभियाना विशीं संसद वांगड्यांक मार्गदर्शन करतना नड्डा हांणी नवी दिल्लींतल्या विस्तारीत संसद हाऊस एनेक्स ऑडिटोरियमांत ध्येय साध्य करपा खातीर खासदारांची म्हत्वाची फुडारपणाची भुमिका स्पश्ट केली क्षयरोग ना करपाची. ह्या संदर्भार तांणी खासदारांक आपापल्या मतदारसंघांतल्या प्रचाराचेर नदर दवरची, दुयेंसा भोंवतणी जागृताय करची आनी प्रचारांत सक्रीयपणान वांटो घेवपा खातीर समाजाक एकठांय हाडचो असो उलो मारलो.**

**Idea 72**

**भारताक पयलेच खेपे आंतरराश्ट्रीय लोकशाय आनी वेंचणुकेची मजत संस्था IDEA हे संस्थेचे अध्यक्षपद साम्भाल्पखातीर आमंत्रण केला. भारता वतीन मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार आयज स्विडनांतल्या स्टॉकहोम हांगा आंतरराष्ट्रीय आयडीईएची अध्यक्षपद सांबाळटले. भारताच्या अध्यक्षपदाचेर सीईसी ज्ञानेश**

**कुमार हांणी , भारतांत मुक्त, पारदर्शक वेंचणूक यशस्वीपणान चलपाची पुराय संवसार खबर आसा आनी ताका मान्यताय दिता अशे सांगलें . भारतांतल्या सगळ्या नागरिकांक आनी वेंचणूक कार्यकर्त्यां खातीर हो एक व्हड अभिमानाची खीण अशें तांणी फुडें सांगलें.**

**Ditwa 123**

**भारताचे ऑपरेशन सागर बंधू वरवी दितवा चक्रीवादळाक लागून जाल्ल्या विध्वंसका आड श्रीलंकेच्या संघर्शाक बळगें दिवपाचें काम चालूच आसा. आपत्ती वेवस्थापन केंद्रान सगल्या 25 जिल्ह्यांनी 465 मरणां, 366 बेपत्ता आनी 15.5 दशलक्षां वयर लोकांक त्रास जाल्ल्याची म्हायती दिल्या .**

**हॉकी - ७०**

**FIH दादल्यांच्या ज्युनियर हॉकी संवसारीक कप २०२५सर्तींत काल भारतान स्वित्झर्लंडाक ५ आड ० अशें हारोवन उपांत्यपूर्व फेरीयेत पावल घाले. तमिळनाडूतल्या मदुराई आंतरराष्ट्रीय हॉकी स्टेडियमात हो खेळ जालो.**